<u>**पावसाळ्यात रस्ते खणपाक बंदी**</u>

ता. 3 जून 2021

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पावसाळ्यात उत्तर गोंय वाठारांतल्या खंयच्याय शारांतलो वा गावांतलो खंयचोय रस्तो वा रस्त्याचो भाग लेखी परवानगी घेतली बगर खंयचीय व्यक्ती, एजन्सी वा संघटनेक खणपाक बंदी लागू केल्या.

पुण, सरकारी भौशीक उपेगाखातीर खंयचोय रस्तो खणपाक पडलो जाल्यार खणील्लो रस्तो रोकड्यारोकडो म्हणल्यार 6 वरांभितर पुरोवपाक जाय आनी 24 वरांभितर योग्य तरेन दुरूस्ती करपाक जाय.

हो आदेश ता. 1 जून 2021 सावन लागू जाला आनी फुडल्या 60 दिसांमेरेन लागू उरतलो. ह्या आदेशाचे उल्लंघन करपी व्यक्ती/एजन्सीचेर कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/505

--

Issued by Department of Information & Publicity